*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**उदकांत गळपी तेल एकठांय करपाच्या बोटीचे उकतावण**

ता. 10 ऑक्टोबर 2019

बंदर खात्याचे मंत्री श्री. मायकल लोबो हांणी आयज पणजेच्या कॅप्टन ऑफ पोर्टसाच्या जेटीचेर उदकांत गळपी तेल एकठांय करपाच्या बोटीचे उकतावण केले. ह्या वेळार पणजीचे महापौर श्री. उदय मडकईकर, कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्याचे सचीव श्री. पी. एस. रेड्डी, कॅप्टन ऑफ पोर्टस जेम्स ब्रागांझा, आदले महापौर श्री. विठ्ठल चोपडेकर, नगरसेवीका श्रीमती सोराया पिंटो मखीजा आनी हेरांची उपस्थिती आशिल्ली.

ही बोट 4.18 कोटी रूपया खर्चून उपलब्ध केल्या आनी ह्या बोटीच्या टाकयेंत 7000 लिटर तेल एकठांय करपाक शकता.

न्हंयांतल्यान येरादारी करतना बार्जीं, नुस्त्यां बोटीं, पर्यटक बोटीं आनी हेर तारवांतल्यान तेल गळटी जावन उदकांत तेल रकता आनी हे तेल उदकाचेर उफेवता. अशें तेल एकठांय करपा खातीर अशा बोटीची गरज आशिल्ली आनी आयज ती पुर्ण जाता. ही बोट कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्याखातीर म्हत्वाची सुविधा थारतली, अशें श्री. मायकल लोबो हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगलें.

ही बोट बिठ्ठोणा जेटीचेर आसतली आनी जेन्ना तेल गळटीविशीं कागाळ येतली तेन्ना बोट थंय वचून उदकांत गळपी तेल टाकयेंत एकठांय करतली आनी अशें तेल तडीक हांडून ताचेर प्रक्रिया करतले. उदकांतले तेलप्रदूशण टाळपा खातीर तेल गळटीचेर उपाय करपाची गरज आशिल्ली.

राज्यातलो खण वेवसाय बंद जाल्ल्यान राज्याच्या येणावळीक मार बसला, पुण म्हाका खात्री आसा खण वेवसाय रोखडोच सुरू जातलो आनी बार्ज मालकांक आनी हेरांक रोजगार मेळटलो. बार्जीवयलो कर माफ कारपाचोय सरकाराचो विचार आसा, अशेंय श्री. लोबो हांणी ह्या वेळार सांगलें.

श्री. मडकईकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. श्री. जेम्स ब्रागांझा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. ह्या वेळार तेल एकठांय करपाचे प्रात्यक्षीक करून दाखयले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/680

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA